नारी शक्ती पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात

पणजी, १९ सप्टेंबर, २०१८
भाद्रपद २८, १९४०

नामनेच्या बायलांक, संघटणांक आनी संस्थांक “नारी शक्ती पुरस्कार” ह्या नांवान राष्ट्रीय पुरस्कार भेटोवन बायलां नी भुरगी उदरगत संचालनालय आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनयतले. “नारी शक्ती पुरस्कार” हातूंत ४० नारी शक्ती रस्कारांचो आसपाव आसा आनी २०१८ वर्सा सावन दर वर्सा ८ मार्चाक जावपी आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान हे पुरस्कार भेटयतले. नामनेचे वा उत्कृश्ट कामगिरी करपी संस्थांक वा संघटणांक आनी व्यक्तींक हे पुरस्कार भेटयतले. प्रमाणपत्र आनी रोख रक्कम अशें ह्या पुरस्काराचें स्वरूप आसा. पुरस्कारा खातीर नामांकन करूंक पात्रताय निकश सकयल दिल्ल्या प्रमाण आसात-पुरस्कार व्यक्ती आनी संस्थांक उकते आसतले. व्यक्तीगत गटांत, नामांकन दिवपाच्या निमाण्या दिसा व्यक्तीची पिराय उण्यांत उणी २५ वर्सां आसूंक जाय. जर अर्ज करपी संस्था आसल्यार, तांणी संबंदीत क्षेत्रांत उण्यांत उणें ५ वर्सां काम केल्ले आसूंक जाय. अर्जदाराक हो पुरस्कार आदीं मेळिल्लो आसूंक जायना (मंत्रालयान दिल्ल्या स्त्री शक्ती पुरस्कारा सयत). बायलांच्या अर्थीक आनी सामाजीक सशक्तीकरणाच्या मळार खास करून असाधारण परिस्थितींत उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या बायलांक / गटांक / संस्थांक /बिगर सरकारी संस्थांक, हेरांक नारी शक्ती पुरस्कार दिवं येता.

बायलांक निर्णय घेवपाच्या भुमिकेंत वांटो घेवंक प्रोत्साहन दिल्ल्या, पारंपारीक आनी अ-पारंपारीक क्षेत्रांत बायलांच्या कुशळटाय विकासाक प्रोत्साहन दिल्ल्या, ग्रामीण बायलांक मुळाव्यो साधनसुविधा दिल्ल्या तशेंच विज्ञान आनी त्रगिन्यान, खेळ, कला, संस्कृती सारकिल्या अ-पारंपारीक क्षेत्रांत बायलांक उर्बा दिल्ल्या व्यक्तींक / गटांक / बिगर सरकारी संस्थांक आनी हेरांक नारी शक्ती पुरस्कार भेटयतले. पात्र नामनेच्या बायलांक, संघटणांनी आनी संस्थांनी आपले अर्ज http://www.wcd.nic.in ह्या बायलां आनी भुरगी उदरगत मंत्रालयाच्यासंकेतथळाचेर उपलब्ध आशिल्लो निर्धारीत अर्ज डावनलोड करून पुराय भरून सगळ्यो जोडण्यो लावन, बायलां आनी भुरगी उदरगत संचालनालय, शिक्षण खात्याची पोरणी इमारत, दुसरो माळो, १८ जून मार्ग, पणजी हांगा ३० सप्टेंबर २०१८ दिसा वा ताचे पयली धाडचो. अर्ज घेवपाच्या निमाण्या दिसा उपरांत आयिल्ले अर्ज मतींत घेवचे नात.

मा/वाप/टीएसएस/जॉआ/स्नेस/फ्रारि/२०१८/१५५१